**Aakashvani Panaji National news 8.40 am 28th September 2025**

Pm mann ki bat

आयज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मान्दतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 126वो भागआसतलो.हीकार्यावळ पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, एअर न्यूज संकेतथळ, न्यूजॉन एअर मोबायल अप्पाचेर प्रसारीत जातलो. तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चम्मलांचेर ताचेथेट प्रसारण जातले. आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडोच प्रादेक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

----------------------------------------

Vice president

उपराष्ट्रपती सीपी राधाकृष्णन आयज बिहाराचा दीसभराच्या भोवंडेर आसतले . पाटणा पावल्या उपरांत आयज सकाळीं पाटणाच्या जयप्रकाश गोलंबर हांगा राधाकृष्णन लोकनायक जयप्रकाश नारायण हांका फुलां ओपन श्रद्धांजली दितले. पाटणांतल्या साहित्य अकादेमीच्या कार्यावळीच्या उन्मेश ह्या तिसऱ्या आवृत्तीच्या निवेदन सुवाळ्यांत ते वांटो घेतलो. आशिया खंडांतलो एक व्हडलो साहित्य महोत्सव म्हूण नामना मेळिल्ल्या ह्या कार्यावळींत भारत आनी परदेशांतले 600 वयर साहित्यकार, कलाकार आनी नाट्य व्यक्ती एकठांय केल्यात, जे 90 परस

चड भास आनी बोलींचें प्रतिनिधित्व करतात. तशेंच उपराष्ट्रपती  दनपारां मुज फ्फरपूरच्या कटरा हांगाच्या चामुंडा देवी देवळांत दर्शन घेतले .

----------------------------------------

Pension

सेवा आनी सुशासान म्हळ्यार लोकसेवा आनी सुशासन ह्या मंत्रान मार्गदर्शन करून प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाल सरकार परिवर्तन आनी प्रगती हाडपा खातीर अथक परिश्रम घेता. आयज ह्या खाशेल्या माळेंत - ‘सेवा पर्व’, मोदी सरकारान अटल पेन्शन येवजणे वरवीं भारताच्या असंघटीत कामगारांक समाजीक सुरक्षा घटमूट केल्या byte

----------------------------------------

UNSC

संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळांत (UNSC) कायमस्वरूपी सुवात मेळोवपा खातीर भा रतान केल्ल्या बोलीक रशियेन परतून तेंको दिला. संयुक्त राश्ट्रांच्या सार्वत्रिक स भेच्या (UNGA)

80व्या अधिवेशनांत रशियेचे विदेश वेव्हार  मंत्री सर्गेई लावरोव हाणी  सद्या च्या जागतीक परिस्थितीचें प्रतिबिंबीत करपाखातीर UNSCसींत सुदारणा करपा ची गरज आसा हाचेर भर दिलो. आशिया, आफ्रिका आनी लटीन अमेरिकेंतल्यान  प्रतिनिधित्व वाडोवपा खातीर ब्राझीला वांगडा कायमस्वरूपी सुवात मेळोवपा खा तीर भारतान केल्ल्या अर्जांत रशिया फाटबळ दिता अशें तांणी सांगलें. हाचे वांग

डाच रशिया हो संयुक्त राष्ट्र संघटनेचो कायमस्वरूपी सुवात मेळोवपाखातीर भार ताक आदार दिवपी एकमेव कायम वांगडी जालो.

----------------------------------------

Heritage

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या काळांत भारताचो संस्कृतीक प्रवास जीवंत, परंपरेंत रुजल्लो आसा. परदेशांतल्यान चोरी केल्लीं मूर्तीं आनी पवित्र अवशेश परतून हाडप हें एक संस्कृतीक पुनरुज्जीवन जालां Byte

----------------------------------------

Jaishankar

भारताचो शेजारी संवसारीक आतंकवादाचें केंद्र आसा आनी स्वातंत्र्या उपरांत आतं कवादाच्या आव्हानाक तोंड दिवचें पडलां अशें विदेश वेव्हार  मंत्री dr एस जयशं कर हांणी सांगलां. संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या सार्वत्रिक सभेच्या 80व्या अधिवेशनां तल्या चर्चेत मंत्री  जयशंकर हांणी ,आतां दशकां सावन व्हड आंतरराष्ट्रीय आतं कवादी हल्ले त्या एकाच देशांतल्यान जातात  अशें रेखांकित केलें.

----------------------------------------

अभयारण्य

हिमाचल प्रदेशांतल्या शीत वाळवंटी जैवमंडल राखीव वाठाराक युनेस्कोच्या संवसा रीक जैवमंडल राखीव जाळयेंत आस्पावित  केला. चीनांतल्या हांग्झू हांगा जाल्ले

वर्ल्ड काँग्रेस ऑफ बायोस्फीयर रिझर्व्हसांत ही घोशणा करून ह्या वाठाराचें मो

ल शाश्वत उदरगतीचें आदर्श म्हूण स्पश्ट केलें.

-----------------------------------------

Cricket

भारत आनी पाकिस्तान ह्या पंगडां मदीं आयज दुबयत आशिया करंड क्रिकेट सर्तीची फायनल जातली. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 8 वरांचेर सुरु जातली.

-----------------------------------------